**राज्य आनी जिल्हा गिरायक कागाळ निवारण आयोगांचे कामकाज पुराय वेळेत सुरू**

ता. 21 डिसेंबर 2022

गोंय राज्य गिरायक कागाळ निवारण आयोग आनी दोनीय जिल्हा गिरायक कागाळ निवारण आयोगांचे कामकाज फाटल्या कांय म्हयन्यांसावन पुराय वेळेत सुरू जाल्ले आसा. सगळ्यां कामाच्या दिसांनी सकाळी 10.30 ते 1.00 आनी दनपरां 2.30 ते सांजेची 5.30 ह्या वेळेत गिरायक दाव्यांचेर सुनावणी जाता. आयोगांमूखार 2019 सावन प्रलंबीत आशिल्ल्यां प्रकरणांची सुनावणी प्रत्येक सप्तकात जाता. अशां दाव्यांच्या सुनावणीक सप्तकात तारीख दिवक ना जाल्यार ताचे योग्य कारण रोजनाम्यात नोंद करतात. तशेंच अशां प्रकरणांची सुनावणी शुक्राराक सकाळी 11.00 ते 1.00 वरा मजगती घेवपा खातीर सगळें कागाळदांर आनी वकीलांनी गोंय राज्य गिरायक कागाळ निवारण आयोगाकडेन संपर्क करचो, अशें आयोगान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/804

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji